**अनुसुचीत जाती/ओबीसी/ईबीसी विद्यार्थांखातीर प्री-मॅट्रीक आनी पोस्ट- मॅट्रीक शिश्यवृत्ती**

ता. 7 डिसेंबर 2021

समाज कल्याण संचालनालया वतीन अनुसुचीत जाती आनी हेर मागास वर्ग समाजातल्या विद्यार्थ्यां खातीर प्री-मॅट्रीक, पोस्ट-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजण आनी आर्थिक मागास वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर पोस्ट मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. पोस्ट-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणेचो लाव घेवपा खातीर एससी विद्यार्थ्यांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 2.50 लाखा वयर, ओबीसी विद्यार्थ्यांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 1.50 लाखा वयर आनी आर्थिक मागास वर्गांतल्या विद्यार्थ्यांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 1.00 लाखा वयर आसपाक जायना. शिश्यवृत्तीची रक्कम अभ्यासक्रम शुल्क, शालेय भत्त्याचेर निंबून आसतली. जाल्यार प्री-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणेचो लाव घेवपा खातीर 5 वी ते 8 वीत शिकपी एससी विद्यार्थ्यांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 1.20 लाखा वयर आनी 9 वी आनी 10 वीत शिकपी विद्यार्थ्यांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 2.50 लाखा वयर आनी ओबीसी विद्यार्थ्यांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ 1.50 लाखा वयर आसपाक जायना. 5 वी ते 8 वीत शिकपी एससी विद्यार्थ्यांखातीर वर्सुकीं 3575/- रूपया आनी 9 वी ते 10 वीत शिकपी एससी विद्यार्थ्यांखातीर वर्सुकीं 4125/- रूपया आनी 5 वी ते 8 वीत शिकपी ओबीसी विद्यार्थ्यांखातीर वर्सुकीं 2475/- रूपया आनी 9 वी ते 10 वीत शिकपी ओबीसी विद्यार्थ्यांखातीर वर्सुकीं 3025/- रूपया शिश्यवृत्ती दितात.

अनुसुचीत जाती/ओबीसी/ईबीसी विद्यार्थांनी www.swportal.goa.gov.in ह्या शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर भेट दिवची आनी आवश्यक दाखल्यासयत अर्ज करचे. अर्ज करपाची निमाणी ता.15 डिसेंबर 2021 आसा आनी म्हाविद्यालयां /शाळांनी ता. 20 डिसेंबर 2021 मेरेन अर्ज धाडपाक जाय.

चड म्हायती खातीर विद्यार्थी, शाळां/संस्थां/महाविद्यालयांनी पालवी संचालक, समाज कल्याण संचालनालय, पणजी गोंय 0832-2232257, 2223784 आनी जिल्हा कल्याण अधिकारी, समाज कल्याण संचालनालय, माथानी साल्डाना प्रशासकीय प्रकल्प, मडगांव, 0832-2794020, 2794021 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1020

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji